गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 10 वर्स 2024**

**11.10. 2024 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25-10-2024 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचे संकेतथळ https://gpsc.goa. gov.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in/चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3.विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार,**"सुचोवण्यांनी"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीपः**-1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) **ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) **ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचो
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधता ई चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई चलनाचेर बँकेचो शिक्को आवश्यक आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लो ई-चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल पत्तो आनी मोबायल क्रमांक चुकय नासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळो पत्रवेव्हार ईमेल पत्याचेर/ मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटले. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल खातें/मोबायल फोन/ आयोगाचें संकेतथळ नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत इंग्लीश आवृत्ती परस खंयच्योय विसंगती दिसल्यो जाल्यार त्यो प्रामाणीत मानतले.**

## <u>I.भौशीक भलायकी खातें</u>

### <u>ए. मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था (Institute of Psychiatry and Human Behavior)</u>

**क्लिनिकल मानसशास्त्रज्ञ (Clinical Psychologist) ..... 2 पदां (1 पद- हेर मागास वर्गियां खातीर आनी 1 पद दिव्यांगत्व आशिल्ले व्यक्ती खातीर आरक्षीत हालचालींचें दिव्यांगत्व/लोकोमोटर** (एक हात, एक पांय, दोनूय हात, दोनूय पांय, एक हात पांय, दोनूय पांय एक हात, दोनूय पांय हात, कुश्टरोग पिडीत (लॅप्रोसी क्युअर्ड), गिड्डो (ड्वार्फीजम), ऍसीड हल्लो पिडीत) **(पदधारकाची गतिशिलताय आनी हाताची क्रियाशिलताय फावो ती आसूंक जाय) (3 रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक :** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान मानसशास्त्रांत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान /संस्थेंतल्यान तत्वज्ञानांत पदव्युत्तर पदवी (क्लिनिकल मानसशास्त्र) वा वैजकीय आनी समाज मानसशास्त्रांत पदविका (दोन वर्सांचो पाठ्यक्रम)वा तत्सम. (iii) मानसशास्त्र वा क्लिनिकल मानसशास्त्र वा वैजकीय आनी समाज मानसशास्त्रांत मानसीक चांचणी आनी समुपदेशन क्षेत्रांत दोन वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** (i) मान्यतायप्राप्त विद्यापिठांतल्यान संबंदीत क्षेत्रांत डॉक्टरेट पदवी वा तत्सम. (iii) मराठीचें गिन्यान.

### <u>बी. गोंय वैजकी महाविद्यालय</u>

सहाय्यक प्राध्यापक: (Assistant Professor In):

**कार्डीओ वॅस्कूलर आनी थोरॅसिक सर्जरी (Cardio Vascular and Thoracic Surgery)...... 1 पद ( हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (11 वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी** :रू.15,600- 39,100 + 6,600/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:**(i)भारतीय वैजकी मंडळ कायदो,1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्यापरिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.(ii)राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारतीय वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/वैजकी पदवी (डी.एम)/मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो एक वर्स शिकोवपाचो वा संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकी पदवी (डी.एम.)/मास्टर ऑफ चिरूरजिया (एम.सीएच.) च्या उमेदवारांक पात्रताय पदवी उपरांत अणभवाची आवश्यकता आसची ना.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

## II. कार्मिक खातें

**मामलतदार/जोड मामलतदार/सतर्कताय अधिकारी (Mamlatdar/Jt. Mamlatdar/Vigilance Officer) ….. 1 पद (दिव्यांगत्व आशिल्ले व्यक्ती खातीर आरक्षीत) (भेरो आनी आयकुपाचे दिव्यांगत्व) (4 थे फावटी)**

**वेतन श्रेणीः** मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :**

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी (ii) स्थानीक महसूल कायदे, कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळूंक शासकीय कायदे, नियोजन आनी विकास कामाचें गिन्यान आसूंक जाय. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.

## III. तंत्रिकी शिक्षण संचालनालय

**सरकारी पॉलिटॅक्नीक**

1. **भौतीकशास्त्रांत व्याख्याते** (Lecturer in Physics) ....... **2 पदां**
   **(1- अन-आरक्षीत, 1 हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (2 रे फावटी)**

**वेतन श्रेणीः** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 9A प्रमाणें **पिराय** - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक : (i) मानवी शास्त्र आनी विज्ञानाच्या योग्य त्या फांट्यांत उण्यांत उणे पयले श्रेणींत पदव्युत्तर पदवी.

टीप: योग्य फांटो म्हणल्यार गणीत,भौतीकशास्त्र,रसायनशास्त्र, इंग्लीश, भूंयशास्त्र अशे विशय आसूं येतात.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:–(i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## IV. उच्च शिक्षण संचालनालय

सरकारी महाविद्यालय

सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant professor in)

1.हिन्दी (Hindi) ......1 पद (अन -आरक्षीत)

2. रसायनशास्त्र (सेंद्रिय) (Organic Chemistry) ...... 2 पदां (1 पद - अन -आरक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)

**3.** संगणक विज्ञान **(Computer Science)** ......... **2** पदां (1 पद - अन -आरक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)

**4.** हार्मोनियम ( **Harmonium )** ......... **2** पदां (1 पद - अन -आरक्षीत, 1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत)

5. कोंकणी (Konkani) ......1 पद (अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्या खातीर आरक्षीत (ईडब्ल्यूएँस)

**6.** रसायनशास्त्र (असेंद्रिय) (inorganic Chemistry) ......1 पद (अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत)

**7.** भौतीकशास्त्र **(Physics)** ......1 पद (अन -आरक्षीत)

8. वाणिज्य (Commerce)....... 4 पदां ( 2 पदां अन -आरक्षीत, 1 पद हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत, 1-पद अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्या खातीर आरक्षीत (ईडब्ल्यूएँस)

9. अर्थशास्त्र (**Economics)** ......1 पद दिव्यांगत्व आशिल्ले व्यक्ती खातीर आरक्षीत (अंधत्व आनी कमी दिसप) (7 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,000/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) पिराय- 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक :** (I) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार उण्यांत उणे 55% गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (ऍनईटी)/राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (ऍसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी दिल्या वा मेळ्ळया जी "विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पध्दत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां महाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना ऍनईटी/ऍसईटी चे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली" (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.

***पदवीधर आनी मास्टर स्तराचेर एससी/एसटी/ओबीसी/पीडब्ल्यूडी वर्गां खातीर पात्रतायेच्या उद्देशान आनी शिक्षणीक पदांचेर थेट भरती करतना बऱ्या शिक्षणीक नोंदीचें मूल्यांकन करपा खातीर 5 टक्के सूट दिवंक शकता.**

## V. शार आनी नगर नियोजन खातें

विधी अधिकारी **(Legal Officer)** **...... 1 पद (अन- आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणीः** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7प्रमाणें **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक –** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी .

(ii) योग्य विधी वेवसायीक आसूंक जाय जो एक वकील वा प्लीडर आसचो, जाणें उण्यांत उणें पांच वर्सां खातीर प्रॅक्टीस केल्ली आसूंक जाय.

वा

(ii) राज्य/केंद्र सरकाराच्या खात्यांत वा संघ प्रदेश प्रशासनांत न्यायालयाच्या प्रकरणां संदर्भांत पांच वर्सांचो अणभव.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदव्युत्तर पदवी.

(ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## VI. हस्तकला वस्त्रोद्देग आनी काथ्याकाम खातें

तंत्रीक अधिकारी ......... **2 पदां (अन- आरक्षीत)** 2 पदांतल्यान 1 पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत (सेरेब्रल पाल्सी, कुश्टरोगांतल्यान बरो जाल्लो, गिड्डो, एसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कुलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर अपंगत्व)

**टीप : जरी शारिरीक दिव्यांगत्व, श्रेणींतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार सामान्य श्रेणींतल्यान तितलींच पदां रिक्त दवरतले.**

**वेतन श्रेणीः** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें **पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक** – (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान/ संस्थेंतल्यान वा तत्सम हातमाग तंत्रज्ञान/ हातमाग आनी वस्त्र तंत्रज्ञानांतली पदवी.

तशें नासल्यार

(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान/ संस्थेंतल्यान वा तत्सम हातमाग तंत्रज्ञान/ हातमाग आनी वस्त्र तंत्रज्ञानांत तीन वर्सांचो डिप्लोमा.

(ii) पदवी वा डिप्लोमा मेळयल्या उपरांत वस्त्र डिझायनिंग/ विणकाम/ प्रक्रिया क्षेत्रांत पांच वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** (i) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

## VII. शिक्षण संचालनालय

**सहाय्यक शिक्षण संचालक** ( Assistant Director of Education ) ....1 **पद (अन-आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** VII वेतन आयोगाचे प्रारंभीक वेतन मॅट्रिक्स स्तर 12 तशेंच+02 नॉन कम्पावण्ड वाडीव प्रारंभीक वेतन (पी बी- 3 संबंदीत) रू.15, 600-39,100 + ग्रेड पे 7,600/- (भाग - B) +02 नॉन कम्पावण्ड वाडीव प्रारंभीक वेतन) **पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.**

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणी द्वितीय श्रेणीची पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान शिकोवप /शिक्षणाची पदवी वा तत्सम (iii) खंयचेय शाळेंत /उच्च माध्यमीक शाळेंत वा शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेंत जापसालदारकेच्या प्रशासकीय पदाचेर उण्यांत उणो 3 वर्सांचो अणभव आसपावीत आशिल्लो, एकूण 10 वर्सांचो अणभव iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** (i) मराठीचें गिन्यान. (ii) उच्च माध्यमीक शाळेच्या प्राचार्य पदाचो अणभव आसूंक जाय.